# राज्य पांवड्यावयल्या राष्ट्रीय वेंचणूक प्रस्नोत्तरी सर्तीचो निकाल

ता.22 डिसेंबर 2017
1 पौष 1939

गोंय मुख्य वेंचणूक अधिका-याच्या कार्यालयान काल पाटो-पणजी हांगाच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाच्या सभाघरात आयोजित केल्ल्या राज्य पांवड्यावयल्या राष्ट्रीय वेंचणूक प्रस्नोत्तरी सर्त 2017-18 चो निकाल जाहिर केला.

राज्य पांवड्यावयल्या सर्तीत स शाळांचे पंगड वाटेकार जाल्ले. पणजेच्या पिपल्स उच्च माध्यमिक शाळेच्या कु. सचिन पाणीकर आनी कु. अश्लेषा नाईक हांच्या पंगडान सर्तीत जैत मेळयले. ह्या पंगडाक आता जानेवारी 2018 त नवी दिल्लीत जावपी राष्ट्रीय पांवड्यावयल्या सर्तीत वाटो घेवपाक मेळटलो.

नावेली-दिवचलच्या व्ही. आर. गावस उच्च माध्यमिक विद्यालयाच्या कु. दिशा मांद्रेकर आनी कु. सुरज मळिक हांणी दुसरे जाल्यार काणकोणच्या जवाहर नवोदय विद्यालयाच्या कु. प्रथमेश वेळीप आनी कु. करण नायक हांणी तिसरे स्थान मेळयले. मडगांवच्या प्रेजेंटेशन कॉन्व्हेंट हायस्कुलच्या श्रेया बोरकर आनी कु. रिझमा पेरेरा हांणी चौथे, दिवचलच्या शांतादुर्गा उच्च माध्यमिकच्या प्रार्थवी पाटणेकर आनी नस्वीन बेग हांणी पांचवे, आनी मडगांवच्या फातिमा कॉन्व्हेंट हायस्कुलच्या दियान डिकॉस्ता आनी समीक्षा आदमाने हांणी सवे स्थान मेळयले.

मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्री. कुणाल हांणी सर्तीच्या जैतवंत पंगडाचे अभिनंदन करून देशाच्या भावी तरणाट्या मतदारांच्या सशक्तीकरणां खातीर भारतीय वेंचणूक आयोग अशा तरेची प्रस्नोत्तरी सर्त आयोजित करता, अशें सांगलें.

जोड मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्री. देविदास गांवकर, पालवी मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्रीमती संगीता नाईक, दक्षिण गोंयचे अतिरिक्त जिल्हाधिकारी श्री. आग्नेल फर्नांडिस, मामलेदार श्री. प्रविंजय पंडित, श्रीमती वर्षा परब आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्ले.

श्री. राजीव डिसिल्वा हे क्विज मास्टर आशिल्ले. डॉ. शांतनु गांवस हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी अतिरिक्त मुख्य वेंचणूक अधिकारी श्री. नारायण नावती हांणी निमणे उपकार मानले.